# <u>69 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय खेळां सर्तींखातीर निवड चाचणी</u>

ता. 19 नोव्हेंबर 2025

69 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय सर्तींखातीर गोंय राज्याचो अंडर-19 चल्यांचो क्रिकेट पंगड आनी अंडर-14 चले आनी चलयांचो बॅडमिण्टन पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान सकयले प्रमाण निवड चाचणीचे आयोजन केला.

अंडर-19 चल्यांचो क्रिकेट पंगड निवडपा खातीर 20 नोव्हेंबर 2025 दिसा कांपाला वयल्या उकत्या मैदानाचेर निवड चाचणी जातली. खेळगड्यांनी सकाळी 9.30 ते 10.30 वरा मेरेन निवड चाचणीच्या थळार हजर रावपाक जाय. एपीईओ श्री. परेश मिस्किन-8830238715 हांचे कडेन संपर्क करचो.

बॅडमिण्टन (अ-14 चले आनी चलयांचो पंगड निवडपा खातीर 20 आनी 21 नोव्हेंबर 2025 दिसा इंडोर हॉल कांपाल हांगा निवड चाचणी जातली आनी खेळगड्यांनी सकाळी 9.30 ते 10.30 वरा मेरेन निवड चाचणीच्या थळार हजर रावपाक जाय. एपीईओ श्री. पांडुरंग नाईक- 8830681588 हांचे कडेन संपर्क करचो.

निवड चाचणीक हजर रावपी खेळगडो शाळा/ज्युनियर कॉलेजीचो नियमित विद्यार्थी आसपाक जाय आनी आपले शाळेचे वळखपत्र/स्पोर्ट्स कार्ड आनी पासपोर्ट आकाराच्या फोटो सयत निवड चाचणीक हजर रावचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/886

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.